Aakashwani Panaji National news 8.40 am 1 March 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत शेतकी आनी ग्रामीण समृध्दीचेर एक दीसभर चलपी अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत आभसिपनन उलोवप करतले. 2025 वर्साच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनचि अंमलबजावणी करपा खातीर भागधारकांक केंद्रीत चर्चा आनी रणनिती तयार करपाचो हे वेबिनाराचो हेत आसा. शेतकी वाड आनी ग्रामीण समृध्दीचेर लक्ष केंद्रीत करुन अर्थसंकल्पांत दिल्लें दृश्टीकोन साकार करपा खातीर सहकार्याची पद्दत सुनिश्चीत करतले. हे कार्यावळीक सगळे केंद्रीय मंत्रीय आसतले. आयज दनपारां जावपी कार्यावळींत कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आपले विचार मांडटले.

भारतांत स्वता खातीर एक आगळीच अस्मिताय कोरांतिल्ल्यान सूफी परंपरेची तोखणाय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केल्या. ताणी सूफी परंपरेक भारताचें वांटून घेतिल्लें दायज अशें म्हळां आनी तांच्या संतांची बहुलवादी संदेशाची तोखणाय केली. प्रधानमंत्री मोदी काल सांजवेळा नवी दिल्लींतल्या सुंदर नर्सरींत नामनेचो सूफी कवी आनी विद्‌वान अमीर खुसरो हाच्या दायजाचो उगडास करपी जहान-ए-खुसरो संगीत महोत्सवांत उलयताले. देशाचे संस्कृताय आनी कले खातीर अशे तरेच्यो कार्यावळी म्हत्वाच्यो अशें सांगून जहान-ए-खुसराऊची तांणी तोखणाय केली.तशेंच रमजानाच्या निमतान प्रधानमंत्र्यान पुराय राष्ट्राक ताणी शुभेच्छा दिल्यो. हो भव्य सूफी संगीत महोत्सव फाल्यां मेरेन चालू उरतलो.

---

केंद्रान पासपोर्ट नेमांत दुरुस्ती केल्या, योग्य अधिकाऱ्यांनी जारी केल्लीं जल्म प्रमाणपत्रां 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ल्या पासपोर्ट अर्जदारांक जल्म तारखेचो एकूच पुरावो केला.1980 वर्साच्या पासपोर्ट नेमांत दुरुस्ती प्रभावीत करपी अधिकृत अधिसुचोवणी जारी केल्या.

---

नव्या नेमा खाला पासपोर्ट (दुरुस्ती) नेम 2025, जल्म  आनी मरण निबंधक, पालिका म्हामंडळान वा जल्म आनी मरण नोंदणी कायदो, 1969 खाला अधिकार दिल्ल्या हेर खंयच्याय प्राधिकरणान जारी केल्लीं प्रमाणपत्रां 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ल्या व्यक्तीं खातीर जल्म तारखेचो पुरावो म्हणून मान्य करतले.हेर अर्जदारांनी जल्म तारखेचो पुरावो म्हणून वाहन चालक परवानो, पॅन कार्ड, वेंचणूक फोटो वळखपत्र वा शाळा सोडपाचें प्रमाणपत्र अशे पर्यायी कागदपत्र सादर करूं येतात.

---

आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत जावपी NXT परिशदेक प्रधानमंत्री मोदी हाजीर रावपाचे आसात. कार्यावळी वेळार न्यूजएक्स वर्ल्ड हें चॅनलय सुरू जातलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी आयटीव्ही नेटवर्क आनी फावंडेशनान ह्या परिशदे खातीर वेगवेगळ्या थरांतल्या लोकांक एकठांय हाडपा खातीर तोखणाय केली.

---

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज महाराष्ट्रांतल्या मुंबयचा दीसभरच्य भोवंदेर आस्तले. ह्या भेटी वेळार मुंबयच्या केपीबी हिंदुजा कॉलेज ऑफ कॉमर्साच्या 75 वर्सां पुराय जाल्ल्या सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे आसतले.

---

केंद्रीय रेल्वेन मुंबय आनी दिल्ली, बनारस, दानापूर, समस्तीपूर, कन्याकुमारी, माऊ, गाजीपूर, तिरुवनंतपुरम ह्या सारक्या जायत्या थळांचेर होळी खातीर खाशेल्यो गाडयो जाहीर केल्यात. एक्साचेर केल्ल्या पोस्टांत ही घोशणा केल्या. सणाच्या हंगामांत गर्दी उणी करप आनी होळी मनोवपी प्रवाशांक त्रासमुक्त प्रवास मेळचो हो ह्या खाशेल्या गाडयांचो हेतू आसा.

---

आरबीआय केवायसी नेम आनी रिणाचे वर्गीकरण नेमा सयत नियामक मार्गदर्शक तत्वां पाळूंक नाशिल्ल्यान आयआयएफएलाक दंड घाला. तशेंच समस्त फायनान्स लिमिटेडचेर 33 लाखां परस चड दंड घाला.

दोनूय प्रकरणांत आरबीआय. नियामक पालनांतल्या उणावाक लागून हे दंड आशिल्ले आनी ह्या बँकांच्या गिरायक करारांचेर ताचो कसलोच परिणाम जावचो ना अशें सांगलां.

---

भारत-इजिप्त रणनिती भागीदारीचें कृतींत रुपांतर करप आनी अलेक्झांड्रियाच्या ग्रंथालय आनी मुंबयच्या आशियाई सोसायटी हांचे मदल्या सम्जिकयेचा कब्लति वरवीं संस्कृतीक संबंद घटमूट करप हाचेर भर दिलो. ताणें राष्ट्राध्यक्ष अब्देल फतह एल सीसी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे मदल्या  इश्टागतीचेर भर दिलो आनी भारत-इजिप्त रणनिती भागीदारी कबलातीचि कृती करपाक येवपी उपक्रमांत रुपांतर करपाची प्रतिज्ञा केली. युरोपीय संघ आनी लॅटीन अमेरिके सयत 110 देशां कडेन इजिप्तान केल्ल्या मुक्त वेपार कराराचेर नदर मारून भारत-इजिप्त वेपारी संबंद घटमूट केल्यार भारतीय वेवसायांक संवसारीक बाजारपेठेंत चड प्रवेश मेळटलो अशें तनि संग्ले. राज्यपाल राधाकृष्णन हांणी ह्या प्रस्तावांक येवकार दिलो आनी नवी मुंबय विमानतळ आनी वधवन बंदर सारकिल्या येवपी मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांक लागून दोनूय राश्ट्रां मदलो वेपार आनीक वाडूंक शकता अशें नदरेक हाडलें.

---

पारंपारीक कड्डणां परतून वापरंत हाद्पक आनी संवसारीक वापराक चालना दिवपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या यत्नांची आनी भारताच्या फुडारपणाची ऑस्ट्रेलियनाचे आदले प्रधानमंत्री टोनी ॲबॉट हांणी तोखणाय केल्या. सध्या ते भारताचा भेतेर आसा. ऑस्ट्रेलियच्या आदल्या प्रधानमंत्रीन नवी दिल्लीच्या डिल्ली हाट हांगाच्या नाफेड बाजरी अणभव केंद्रांत श्री अन्ना (बाजरी) हें एक शश्वत आनी पोशक अन्न स्त्रोत म्हूण  भारताच्या उपक्रमांचो अभ्यास केलो.ताच्या भेटी वेळार ॲबटाक वेगवेगळ्या प्रकारच्या बाजरेंतल्यान तयार केल्ल्या विंगड विंगड प्रकारांची वळख करून दिली.

तांणी  बाजरी हें सुपरफूड अशें संगुन तचा पर्यावरणीय आनी भलायकेच्या फायद्याचेर भर दिलो.बाजरे हें एक टिकावू पीक आनि हे भेटींतल्यान भलायकेक बरो फुडार सुनिश्चीत करपा खातीर पारंपारीक अन्नधान्याचें म्हत्व बळकट जला.

---

राज्यांतल्या लोकांक नितळसाणे विशीं जागृत करपा खातीर मध्य प्रदेश सरकारान रिल सर्त सुरू केल्या. सर्तींतल्या जैतिवंतांक दोन लाख रुपया मेरेन प्रोत्साहन दितले.स्वच्छ एमपी रील सर्तीचें वर्णन करतना राज्य पंचायत आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री प्रहलाद सिंग पटेल हांणी सांगलें, सहभागी लोकांक 15 एप्रील मेरेन आपली रील अपलोड करपाक मेळटली. राज्यभरांतल्यान मेळिल्ल्या रिलांतल्यान उत्कृश्ट पांच भाग घेवप्यांक 25 हजार ते 2 लाख रुपया मेरेन इनामां दितले.स्वच्छ एमपी रील सर्तीचो हेत म्हळ्यार नितळसाणेचे दिकेन नवकल्पना मुखार हाडप, जाका लागून हेर लोकांकय तांचे कडल्यान शिकपाक मेळटलें आनी कोयराचे बरो उपेग करून आपलें वातावरण निवळ दवरपाक मेळटलें.